**<u>मुख्यमंत्र्याकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं</u>**

ता. 14
ऑक्टोबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयच्या लोकांक व्हडा उमेदीन आनी धर्मिक भावनेन मनोवपात येवपी दसऱ्याच्या उत्सवाची हुनहुनीत परबीं भेटयल्या.

मुख्यमंत्री आपल्या संदेशात म्हणटा, ज्या दिसा श्री रामान रावणाचो वध केलो तो दिस दसरो आनी तो आमी बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण मनयतात. दसऱ्याच्या/विजयादशमीच्या उत्सवान धा दिसांच्या नवरात्रां उत्सवाची सांगता जाता. नवरात्रां उत्सवात महिशासूर राक्षसा सारख्या वायट शक्तिचो नाश करपी दुर्गामाता देवीची आराधना करतात.

आयज संवसार कोवीड 19 म्हामारीक लागून पिडीत जाल्लो आसतना दसऱ्याचो उत्सव गोंयच्या लोकांक शांतीकाय, भरभराट आनी बरी भलायकी घेवन येव. अशा प्रसंगार आमी आमची भावना कायम दवरून कोवीड-19 म्हामारीआड लडपाक योग्य सुरक्षा उपाय करूया.

ह्या वर्सा दसऱ्याचो उत्सव सगळ्यांच्या जीणेत शांतीकाय, सलोखो आनी भरभराट घेवन येव. वायट प्रवृत्ती पयस करून उजवाडा कडेन वाटचाल करूया आनी राज्याची एकजूट आनी प्रगतीखातीर नव्यान प्रयत्न करूया, अशें मुख्यमंत्री म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/860

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji